## रस्त्याकुशींक वाहनां पार्क करपाक मनाय

ता. 23 मार्च 2021

पर्वरी हांगा नवीन बांदिल्ल्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठाच्या नव्या इमारतीच्या उक्तावणाखातीर सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश आनी हेर मानेस्त ता. 26 ते 29 मार्च 2021 मजगतीं गोंयांत येवपाचे आशिल्ल्यान लोकांनी ता. 26 मार्च आनी 29 मार्च 2021 दिसा आपली वाहनां दाबोळी विमानतळ ते चोगम मर्गान हॉटेल ताज-फोर्ट आग्वाद, सिकेरी मेरेनच्या रस्त्याचेर पार्क करची न्हय. तशेंच ता. 27 आनी 28 मार्च 2021 दिसा हॉटेल ताज-फोर्ट आग्वाद, सिकेरी ते चोगम मार्गान मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठाची नवी इमारत, पर्वरी मेरेनच्या रस्त्याचेर वाहनां पार्क करची न्हय.

तशेंच अतिमहनिय व्यक्तिच्या वाहनांच्या ताफ्यांक सुरळीत मार्ग करून दिवपाखातीर योग्य वेळार आनी जाग्यार येरादारी थांबोवपात येतली तशेंच दुसऱ्या मार्गान वळोवपात येतली.

अतिमहनिय व्यक्तिच्या वाहनांचो ताफो येवपाच्या वेळार वयल्या रस्त्यांचेर वाहनां पार्क केल्ली आसत जाल्यार ती ओडून कुशीक व्हरतले. लोकांनी वयल्या काळांत ह्या आदेशाक आनी येरादारी नेमांक पाळो दिवन सहकार्य करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/344

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji